## अग्नीशमन सेवा संचालनालया वतीन विद्यार्थ्यां खातीर पोस्टर सर्तीचे आयोजन

ता. 31 मार्च 2026

अग्नीशमन सेवा संचालनालयान 14 एप्रिल 2026 दिसा मनोवपात येवपी राष्ट्रीय अग्नीशमन सेवा दिसाच्या फाटभुंयेर शाळांच्या भुरग्यांखातीर 4 एप्रिल 2026 दिसा राज्यांतल्या विविध फायर स्टेशनांच्या सुवातेर पोस्टर सर्तीचे आयोजन केला. ही सर्त पिराय 7 ते 10 वर्सां आनी पिराय 11 ते 14 वर्सा अशां दोन गटांत जातली. पिराय 7 ते 10 वर्सां वर्सांच्या गटा खातीर "Stop, Drop and Roll-Stay Safe from Fire" आनी पिराय 11 ते 14 वर्सांच्या गटा खातीर "Fire Safety Awareness for a Safer Society" असो विशय आसा. उजो पालोवपी दळाच्या राज्यांतल्या केंद्रां वतीन सकाळी 10.30 ते 12.30 वरा मजगती ही सर्त आयोजीत करतले.

सरकारी मुळावी शाळा, दिवचल, सरकारी मुळावी शाळा, काणकोण, इनफंट जिजस हायस्कुल, कुंकळ्ळी, सर्वोदय एज्युकेशन सोसायटी, कुडचडे, वागळे हायस्कुल, मंगेशी आनी न्यु इंग्लिश हायस्कुल, कुंडय, ए. डी. ई. आय. स्कुल, म्हापशें, रविंद्र भवन मडगांव, ओल्ड गोवा एज्युकेशन संस्था स्कुल, ओल्ड गोवा, डॉन बॉस्को हायस्कुल, पणजी, सरकारी हायस्कुल, पेडणे, डॉन बॉस्को हायस्कुल, कळंगुट, आल्मेदा हायस्कुल, फोंडें, ट्राईम्फ हायस्कुल, पर्वरी, सरकारी मुळावी शाळा, वाळपय, पंचायत हॉल, चिकली, म्हालसा हायस्कुल, वेर्णा हांगा सर्त जातली.

सर्तीच्या जैतिवंतांक अग्नीशमन सेवा संचालनालया वतीन 14 एप्रिल 2026 दिसा सांतिनेज पणजी हांगा अग्नीशमन सेवा दळाच्या मुख्यालयांत आयोजीत राष्ट्रीय अग्नीशमन सेवा दिसाच्या कार्यक्रमात इनामां भेटयतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सर्तीच्या जैतवंत भुरग्यांक इनामां भेटोवपात येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/225

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.